आकाशवाणी पणजीच्या

राष्ट्रीय खबरो

Panaji National

Date : 20/02/2026 6.30 PM

- राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज अरुणाचल प्रदेश आनी मिझोरामांतल्या लोकांक तांच्या राज्य स्थापना दिसा निमतान परबीं दिल्यांत. दोनूय राज्यांनी सैमीक सोबीतकाय, गिरेस्त सांस्कृतीक दायज आनी उद्देजक लोकांचो आशीर्वाद आसा अशें राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलें. राश्ट्रीय उदरगती खातीर आपले उल्लेखनीय योगदान आनी वचनबद्धताय राखून हीं राज्यां प्रेरणा दितात हे सांगून ताणी दोनूय राज्यांतल्या लोकांक तिगून उरपी प्रगती आनी समृद्धी मेळची अशी इत्सा केली.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल नवी दिल्लींत चालू आशिल्ल्या 'इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिटाच्या फाटभुयेर संवसारीक फुडाऱ्यां कडेन द्विपक्षीय चर्चा केली. प्रधानमंत्र्यांनी फ्रान्सचे राष्ट्रपती इमॅन्युएल मॅक्रॉन, अबू धाबीचे युवराज शेख खालिद बिन मोहम्मद बिन झायेद अल नाह्यान, नेदरलँड्सचे प्रधानमंत्री डिक शूफ, स्वित्झर्लंडाचे अध्यक्ष गाय पारमेलिन आनी हेलेनिक रिपब्लिकाचे तांचे समकक्ष किरियाकोस मित्सोटाकिस हांचे कडेन उलप केले.

- केंद्रीय कृषी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हांणी आयज नवी दिल्लींत ब्राझीलाचे कृषी मंत्री कार्लोस फावरो हांचे वांगडा बसका घेतली. ह्या बसके वेळार, ब्राझीलचे कृषी मंत्री आनी ताच्या पंगडा कडेन शेतीचेर उपेगी चर्चा केली. आयसीएआर आनी ताचे ब्राझील समकक्ष जायत्या क्षेत्रांनी सहकार्य करतले अशे माध्यमांकडेन उलयतना, श्री चौहान हांणी सांगलें.

ब्राझीलान भारतांत एक 'सेंटर ऑफ एक्सलन्स' स्थापन करपाक मान्यता दिल्या अशी म्हायती केंद्रीय कृषी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हांणी दिली.

1) अमेरिकेचे अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी इराणाक 10 ते 15 दिसां भितर अणुकेंद्रीय कराराचेर अमेरिके कडेन कबलात करपाची शिटकावणी दिल्या. बोर्ड ऑफ पीस हांच्या उक्तावण बसके उपरांत पत्रकारां कडेन संवाद सादतना राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी अमेरिकेक कबलात करपाची इत्सा आसा अशें सांगलें

2) नवी दिल्लींत जाल्ल्या एआय इम्पॅक्ट समिटांत भारत आनी अमेरिके मदल्या पॅक्स सिलिका घोशणापत्र स्वाक्षरी सुवाळ्याक संबोधीत करतना गूगल आनी आल्फाबेटाचे सीईओ सुंदर पिचाई हांणी 'पॅक्स सिलिका सायनिंगांत भारत आनी अमेरिकेक जोडपाचो अभिमान आसा' अशे सांगलें. समावेशी आनी परिवर्तनकारी एआयचो फुडार घडोवपाक भारत-अमेरिका भागीदारीची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें पिचाई हांणी नदरेक हाडलें. एआयचो फायदो सगळ्यांक आनी सगळेकडेन मेळचो हे खातीर दोनूय राश्ट्रांनी एकठांय येवन वावुरपाची गरज आसा हाचेर तांणी भर दिलो.

क्रीडा

3) आयसीसी टी-20 क्रिकेट विश्वचषकांत श्रीलंकेच्या पल्लेकेले आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत जावपी निमाण्या गट बी सरतींत ऑस्ट्रेलिया आयज ओमान आड खेळटलो. सांजवेळा 7 वरांचेर मॅच सुरू जातली. दोनूय पंगड सर्तींतल्यान पयलींच भायर पडल्याकारणान ही मॅच अर्थहीन थारतली. ह्या गटांतल्यान झिंबाब्वे आनी श्रीलंका हांणी सुपर आठ टप्प्यांत सुवात मेळयल्या. फाल्यां कोलंबोच्या आर.प्रेमदास आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत न्यूझीलंड आनी पाकिस्तान हांचे मजगती सर्त सुरू जातली.

हवामान

4) फुडल्या दोन ते तीन दिसांत केरळ आनी माहे हाँगासर काय सुवातींनी पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण फुडल्या तीन दिसांत देशाच्या वायव्य आनी मध्य भागांत चडांत चड तापमान 3 ते 4 अंश सेल्सियस वाडूंक शकता.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले - फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर